AKASHVANI PANAJI GOA REGIONAL NEWS @7:20PM on 15-05-2025

## राजनाथ सिंग काश्मीर 238

फाटल्या जायत्या दशकासावन पाकिस्तान आनि पाकव्याप्त जम्मू आनि काश्मीरातल्यान निर्यात जावपी दहशतवादाक भारतान दिलली जाप म्हळ्यार ऑपरेशन सिंदूर आसा अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगले.

लष्कराच्या १५ व्या कॉर्प्स बदामी बाग छावणीत जवानांकडेन उलयताना संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ऑपरेशन सिंदूर करताना भारतीय सशस्त्र दळानी दाखयल्या शौर्याची , आनि बारीकसाणेन केलल्या कामाची तोखणाय केली. आमची आवय म्हणजे भारत माता आनी तिचे रक्षण करपाखातिर जवानांनी दाखयल्या धाडस, वचनबद्धतायेचो देशाक सशस्त्र दळांचो अभिमान आसा अशे ताणी मुखार सांगला .

पाकिस्तानान भारताक कशे तरेन धमकी दिल्या ते पुराय संवसारान पळयला अशे ताणी सांगले. पाकिस्तानच्या हातात आशीलल्या अण्वस्त्रांच्या सुरक्षिततायेचेर ताणी प्रश्नचिन्ह तयार केले आनि, पाकिस्तानची अण्वस्त्रे आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा संस्थेच्या म्हळ्यार IAEA च्या नदरेमुखार आसपाक जाय अशे ताणी मुखार सांगला.

२२ एप्रिल दिसा जाल्या पहलगाम हल्ल्याक प्रत्युत्तर म्हूण भारतान पाकिस्तान आनि पाकव्याप्त काश्मीरमदल्या दहशतवादी तळांक लक्ष्य करपाखातिर ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्याउपरांत जम्मू आनि काश्मीराक ही पयलीच भेट आसा.

ऑपरेशन सिंदूराच्या यशस्वी अंमलबजावणीत सैनिकांनी दाखयल्या धाडस आनि त्यागावीशी देशातलया लोकांनी केलली तोखणाय आनि परबी सैनिकांक दिवपाखातीर आपुण श्रीनगरांत आयला अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी दहशतवादाआड भारताचे विचार, नदर, दृष्टिकोन स्पष्टपणान व्यक्त केला अशे ताणी मुखार सांगले.

चर्चा आनि आतंकवाद वांगडा वचू शकनात आनि पाकिस्तानाकडेन फुडारांत कसलेच तरेन चर्चा जावची ना , जालयार ती फकत पाकव्याप्त जम्मू-काश्मीर आनि आतंकवादावीशी आसतली अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगले.

नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा, मुखेलमंत्री ओमर अब्दुल्ला, लष्करमुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी आनि हेर वडील अधिकारी ह्या वेळार हाजिर आशीलले.

## प्रवाशांचे सुरक्षेखातीर मडगांव पालिका बागेभोवती रॅलिंग बसयलीं

मडगाव: मडगांव पालिका बागेच्या फुटपाथावयल्यान भोवपी लोकांक सुरक्षा मेळची हे खातीर ३० लाख रुपया खर्चून हे बागेच्या फुटपाथा भोंवतणी रॅलिंग घालपाच्या कामाक सुरुवात केल्या. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांचे हस्तुकी आयज ह्या कामाक सुरुवात जाली. ह्यावेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार आनी हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले.

वट्ट चार सुवातांनी अशे रॅलिंग्स बसयतले ह्याखातीर रस्त्यावयल्यान जी वाहनां येतात तांच्यापासून फुटपाथावयल्यान भोवपी लोकांक सुरक्षा मेळटली. रस्तो आनी फुटपाथ हांची उंचाय एकाचसारकी आशिल्ल्यान रस्त्यावयल्यान वचपी वाहनां ह्या फुटपाथाचेर चडची न्हय ह्याखातीर हो जतनायेचो उपाय घेतला.

इतले मजगती सध्या चालू आशिल्ल्या रस्ता े सुरक्षा सप्तकाच्या निमतान आयज गोवा कॅन हे आपवावुरपी संस्थेच्या कार्यकर्त्यांनी मडगांवां कदंब बस स्थानकाचेर जागृतायेची कार्यावळ केली. ह्यावेळार कार्यकर्त्यांनी बस चलोवपी आनी कंडक्टर हांकां येरादार सुरक्षेविशीं मार्गदर्शन केले अशी म्हायती गोवा कॅनच्यो लॉर्ना फर्नांडिस हांणी दिली. मडगावांत कांय खासगी बसी मेळत त्या सुवातेर थांबतात हे बंद जावपाखातीर येरादार पुलीसानी मोहीम हातात घेवची अशी मागणी गोवा कॅन ह्या संघटनेन ह्यावेळार केली.

## पीएसआय भरती - 150

कर्मचारी भरती आयोगा वरवीं नव्यान भरती जावपी पुलीस उपनिरीक्षक (पीएसआय) पदां खातीर सध्या सेवेंत आशिल्ले पुलीस शिपाय, हवालदार आनी साहाय्यक पुलीस उपनिरीक्षक हांचे खातीर पिरायेची अट मेकळी करून ऑनलायन अर्जाच्या नमुन्यांत गरजेच्यो सुदारणा केल्यात.  पीएसआय पदां खातीर इत्सुकांनी सेवा उण्यात उणी ३ वर्सांची आसप गरजेचें. गोंय कर्मचारी भरती आयोगान हे विशींची नोटीस जारी केल्या.

कर्मचारी भरती आयोगान हेर जायत्या पदां सयत पुलीस उपनिरीक्षकांची (पीएसआय) १८७ पदां भरपा खातीर जायरात दिल्या. १८७ पदां मदलीं ३० पदां

बायलां खातीर आसात. हाचे भायर एससी, एसटी, ओबीसी, खेळगडे ह्या गटां खातीर राखीव जागे आसात.

सेवेंतले पुलीस शिपाय, हवालदार आनी साहाय्यक पुलीस उपनिरीक्षक हांकां अर्ज करप शक्य जावचें म्हणून ऑनलायन अजार्ंत गरजेचे बदल केल्यात. सेवेंतल्या पुलिसां खातीर पिरायेचे मर्यादेंत सूट मेळटली. अर्थीक नदरेन मागास , हेर मागासवर्गीय आनी उक्त्या गटा खातीर ४० वर्सां पिराय आशिल्ले अर्ज करपाक पात्र आसात. एससी/ एसटी गटांत ४५ मेरेन पिराय आशिल्ले अर्ज करपाक पात्र थारतात अशें आयोगान स्पश्ट केलां.

## कोकणी अकादेमी अध्यक्ष

गोवा कोकणी अकादेमीचे अध्यक्ष म्हूण सरकारान पूर्णानंद च्यारी हांची नेमणूक केल्या. हे विशीची अधिसूचोवणी सरकारान जारी केल्या. फुडल्या तीन वर्सां खातीर ते अध्यक्ष आसतलें. हे भायर अकादेमीचे सदस्य म्हूण रमेश घाडी, संतोष केरकार आनी माया खरंगटे हांची नेमणूक केल्या. प्रा. अरूण साखरदांडे हाणी राजीनामो दिले उपरांत कोकणी अकादेमीचे अध्यक्षपद खाली आशिल्ले. उपाध्यक्ष वसंत सावंत हांची कार्यकारी अध्यक्ष म्हूण सरकारान नेमणूक केल्ली. आता पूर्णानंद च्यारी हांची पुराय वेळ अध्यक्ष म्हूण नेमणूक जाल्या.

## DIP- CHESS - 50

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय आनी केंद्रीत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळा मंडळाचे वतीन अखील भारतीय नागरी सेवा बुध्दीबळ सर्त २१मे सावन ३० मे मजगतीं जातली.ही सर्त पेडें म्हापशेच्या भाऊसायब बांदोडकार खेळा संकुलांत

खेळयतले.राष्ट्रीय पावंड्यावयले वेगवेगळ्या राज्यांतलें सुमार ३५ दादल्यांचें पंगड आनी ३२ बायलांचे पंगड मेळून सुमार ५०० खेळगडी हें सर्तींत वांटेकार जातले.गोंयभरच्या बुध्दीबळ खेळगड्यानी हें सर्तीचो लाव घेवचो अशे जाळवणदारांनी कळीत केलां.

SUSHANT

मडगावच्या न्यू मार्केट आनी गांधी मार्केट कामांचा े नियाळ घेवपाखातीर बसका जाली

मडगाव: मडगावच्या न्यू मार्केट आनी गांधी मार्केट ह्या दोन सुवातींनी जी कामां हातात घेतल्यात तांचो नियाळ घेवपा खातीर आयज मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्या अध्यक्षते खाला जिल्लोधिकारी कार्यालयांत बसका जाली. हे बसकेंत अतिरिक्त जिल्लोधिकारी श्रीनेत कोटवाळे, येरादारी पुलीस निरिक्षक संजय दळवी, वीज खात्याचे अधिकारी, आनी बाजार समितीचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

न्यू मार्केट आनी गांधी मार्केटांत गरजेचें दुरुस्तीचें काम रोखडेंच पुराय करपाचे आदेश ह्या वेळार दिले. ह्या दोनूय मार्केटांतल्या वीज लायनींची दुरुस्ती करपाचो आदेश वीज खात्याक दिला. दोनूय मार्केटांतल्या उदरगतीच्या कामांची वळेरी तयार करपा खातीर उपसमितीची नेमणूक केल्या आनी फाल्यां मेरेन समिती आपलो अहवाल सादर करतली. तेच प्रमाण ही समिती हीं कामां नेमके केन्ना सुरू करचीं तें थारायतली.

आमदार निधीचो उपेग करून नव्या मार्केट इमारतीचें काम हातात घेतला. हातूंत मार्केटाचे छप्पर दुरुस्त करप, रंगोवप, बाजारांत टायल्स घालप, बाजारपेठेची गेट

दुरुस्त करप हांचो आस्पाव जाता. दुसरे इमारतीचें काम बेगीन सुरू जातलें अशें सांगिल्लें अशें कामत हांणी सांगलें.

ह्या दोनूय मार्केटात उजो लागपाची घडणूक घडल्यार तो पालोवपाक उदक लागी आसचे ह्याखातीर दोनूय सुवातींनी उदकाचे हायड्रंट बसोवपाचो निर्णय घेतला अशें कामत हांणी सांगलें.

## बीए.बी.एड आनी बी.एससी.बी.एड एकत्रीत कार्यावळीं खातीर ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया मुजत फाल्यां मेरेन

२०२५/२६ शिक्षणीक वर्सा खातीरची बीए.बी.एड आनी बी.एससी.बी.एड एकत्रीत कार्यावळीं खातीर ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया मुजत फाल्यां म्हळ्यार १६ मे दिसा सोंपतली अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयान दिल्या. इत्सूक पात्र विद्यार्थ्यांनी बेगोबेग प्रवेश प्रक्रिया पुराय करची अशेंय उच्च शिक्षण संचालनालयान मांगलां. विद्या प्रबोधिनी कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एज्युकेशन, कम्प्यूटर अँड मॅनेजमेंट, विद्यानगर, आल्तो-पर्वरी, गोंय आनी हरमल पंचक्रोशी शिक्षण मंडळाचे गणपत पार्सेकर कॉलेज ऑफ एज्युकेशन, विद्या संकुल, भोम, पठार, हरमल ह्या कॉलेजीनी शिक्षणीक वर्स २०२५/२६ खातीर पात्र उमेदवारांनी अर्ज करपाचो उलो उच्च शिक्षण संचालनालयान मारलां. बीए.बी.एड खातीर १५० आनी बी.एससी.बी.एड खातीर ५० सुवाती आसात. ही ऑनलायन अर्ज प्रक्रिया बिरेस्तार ८ मे सुरू जाल्ली ती फाल्यां सोंपतली.. चड म्हायती खातीर https://www.dhe.goa.gov.in ह्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या संकेतथळाक भेट दिवची. अर्जदारांक पुराय प्रक्रियेंत मजत करपा खातीर सविस्तर अर्ज आनी मार्गदर्शक तत्वां वेबसायटीचेर उपलब्ध आसात.

## हवामान 124

नैऋत्य मौसमी पावस दक्षिण बंगालच्या खाडी, अंदमान दर्या, आनी निकोबार जुवे दर्याच्या कांय वाठारांनी फुडें सरला. फुडले तीन-चार दीस मौसमी पावस मुखार सरपाखातीर परिस्थिती अनुकूल आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां.

फाल्यां मेरेन मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयांतल्या काय सुवातेर गडगड आनी जोगला सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. गोयांत फुडल्या दोन दिसांत वाऱ्याचो वेग 45 ते 55 किलो मिटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा. ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड 35.9 तापमान अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 27.4 अंश सेल्सियस नोंद जालां. जालयार मुरगावांत चंडांत चड 34.8 जालयार उणयात उणे 27.8 तापमानाची नोंद जालया. फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड 35 तापमान अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 27 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.